PANAJI NATIONAL १७.०३.२०२६ @ ८.४० am DEVASHRI

मुखेल खबरो

- लोकसभा आज रेल्वे मंत्रालया-खालच्या वर्स २०२६-२७ च्या (Demands for Grants) म्हण्ल्यार 'अनुदानाच्या मागण्यां'चेर मुखार चर्चा आणि मतदान करतले
- देशभरातल्या २३ शैक्षणिक संस्थांमदी क्वांटम शिक्षण सुविधा आणि प्रयोगशाळा स्थापन करपाक सरकारान मान्यता दिल्या.
- टपाल खातें आज सावन २४ स्पीड पोस्ट सेवा केंद्रां सुरु करतले
- आज फ्रांसांत सुरू जावपी 'ऑर्लियन्स मास्टर्स सुपर 300' बॅडमिंटन सर्तींत वरिश्ठ खेळगडो किदम्बी श्रीकांत, तरणाटे खेळगडो आयुष शेट्टी आनी तन्वी शर्मा खेळतली

लोकसभा

लोकसभा आज रेल्वे मंत्रालया-खालच्या वर्स २०२६-२७ च्या (Demands for Grants) म्हण्ल्यार 'अनुदानाच्या मागण्यां'चेर मुखार चर्चा आणि मतदान करतले. काल चर्चेची सुरवात करतना कॉंग्रेसीचे तारिक अनवर हांणी सरकाराक आपले उद्दिश्ट साध्य करपाक अपेस आयलां असो आरोप केलो. 'अमृत भारत स्टेशन येवजणे खाला एक हझार तीनशे सात्तीस स्टेशनां मदल्या फक्त 160 स्टेशनांचेर पुनर्विकासाचें काम पुराय जालां अशें तांणी सांगलें. सरकार फकत प्रवाशांच्या सुरक्षेच्या नांवान घोशणा करता असोय आरोप अनवर हानी केला. फाटल्या धा वर्सांत रेल्वे क्षेत्रांत म्हत्वाचो बदल जाला अशें भाजपाचे गणेश सिंग हांणी सांगलें. नवे तंत्रगिन्यान आपणायल्यात आनी रेल्वे नेटवर्काचोय विस्तार सुरू आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें. 2013-14 वर्सा रेल्वेचो अर्थसंकल्प फकत त्रेसष्ट हजार कोटी रुपया आशिल्लो , जो आतां 2 लाख अठ्यात्तर हजार कोटी रुपया जालां.

आयज राज्यसभेंत अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण (The Appropriation Bill, 2026) म्हण्ल्यार 'विनियोग विधेयक, २०२६' विचारा खातीर आणि परत सादर करपाक मांडपाची शक्यताय आसा.

निर्मला सीतारमण-

अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती आनी देशभरांतल्या बायलांक चड फायदो दिवपा खातीर सरकार 'स्टँड-अप इंडिया' येवजणेची नवी आवृत्ती सुरू करपाचें आसा. लोकसभेंत पूरक प्रस्नांक जाप दितना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें की, 'स्टँड-अप इंडिया' येवजण एप्रिल 2016 वर्सा सुरू जाल्ली ती फाटल्या वर्सा मार्चांत सोंपल्या. नीती आयोग आनी हेर खात्यांनी हे येवजणेचो अभ्यास केला, आनी सध्या ताची पुनर्रचना करून लावार्थ्यांक वाडिल्ले फायदे पावोवपाचें काम सुरू आसा.

जितेंद्र सिंह

देशभरातल्या २३ शैक्षणिक संस्थांमदी क्वांटम शिक्षण सुविधा आणि प्रयोगशाळा स्थापन करपाक सरकारान मान्यता दिल्या. विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हांच्या अध्यक्षतेखाला विज्ञान मंत्रालय आणि विभागांच्या सचिवांच्या संयुक्त मासिक बसकेत ही घोषणा केली. विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्रालयान म्हायती दिली की उदेत्या क्वांटम तंत्रज्ञानातले प्रगत संशोधन आणि प्रशिक्षणाक तेको दिवपाक आनीक १०० क्वांटम शिक्षण प्रयोगशाळा आणि सुविधांचो विचार सुरू आसा. बसकेत, २०२६ च्या इंडिया इंटरनॅशनल सायन्स फेस्टिव्हलच्या तयारीचो लेगीत नियाळ घेतलो आणि या कार्यक्रमाखातीर पुणे हे प्रस्तावित सुवात म्हणून थारले. बसकेत या वर्साच्या निमणेक अपेक्षित आशिल्या मुखावेल्या PSLV मोहिमेच्या तयारी सयत आगामी उपग्रह प्रक्षेपणां/सयत अंतराळ क्षेत्रा/विशी/चोय आढावो घेतलो. विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्रालयान सांगले की सहयोगी संशोधन उपक्रमांक प्रोत्साहन दिवपाक विज्ञान-विभागां/मदी आंतर-मंत्रालयीन समन्वय मजबूत करपाचेरूय चर्चा जाली.

बसकेत मुखेल वैज्ञानिक कार्यक्रम, आगामी राष्ट्रीय कार्यक्रम आणि वेगवेगळ्या विज्ञान मंत्रालयांमदलो समन्वय मजबूत करपाच्या प्रयत्नांचोय नियाळ घेतलो

फॅक्ट चेक

पश्चिम आशियात सध्या सुरू आशिल्या संघर्षा वेळार सोशल मीडियार पसरावपी वेगवेगळे फटीचे  दावे परराष्ट्र मंत्रालयान भायरायल्यात. सोशल मीडिया पोस्टात, परराष्ट्र मंत्रालयाच्या फॅक्ट चेक युनिटान एका पोस्टाचो पर्दाफाश केला जातुन दावो केल्लो  की इराणन hormuzच्य□दर्यावटेन/च्या आपल्या जहाजां खातीर सुरक्षित मार्ग मेळोवपाच्या भारताच्या प्रयत्नांक न्हयकार दिला . परराष्ट्र मंत्रालयान माजी लष्कर/प्रमुख जनरल मनोज पांडे हांचे भारतीय सशस्त्र दलांबद्दल विधान करताना डिजिटली बदल केल्लो व्हिडिओय उक्ताडार हाडला. मंत्रालयान नागरिकांक सोशल मीडियावेल्या बनावट आणि खुप फावट फिर/तल्या व्हिडिओं/पासून सावध रावपाचे आवा/हन केला

एलपीजी

कतारांतल्यान शेचाळीस हजार मेट्रीक टन द्रवरूप पेट्रोलियम वायू  (एलपीजी) वाहक जहाज 'शिवालिक' काल गुजरातांतल्या मुंद्रा बंदरात दाखल जाले. नवी दिल्लींत जाल्ले 'अस्तंत आशियांतली हालींच्या काळांतली घडामोडीं'चेर आयोजित आंतर मंत्रालयीन बसकेत उलयताना  बंदर, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्रालयांतले खाशेले सचीव राजेश कुमार सिन्हा हांणी एलपीजी घेवन वचपी आनीक एक भारतीय जहाज-'नंदा देवी'-आयज पावतलें अशी म्हायती दिली.

नड्डा-

संकटाच्या काळांत देशांत राजकारण करपाची संद भारतीय नॅशनल काँग्रेस आनी विरोधी पक्ष केन्नाच वगडायना असो आरोप  राज्य सभाघराचे फुडारी जे.पी. नड्डा हाणी केला.

आंतरराष्ट्रीय परिस्थितीक लागून संकट निर्माण जालां अशी म्हायती तांणी सभा घराक दिली. ह्या संकटाक फुडो करपाक सरकारान सविस्तर चर्चा केल्या आनी परिस्थिती स्पश्टपणान सांगल्या, पूण विरोधी पक्ष ते आयकुपाक तयार नात अशें नड्डा हांणी सांगलें.

हाचे पायली 'शून्य वरा' वेळार विरोधी पक्षाचे फुडारी मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी सभाघरांत एलपीजीचो प्रस्न मांडलो आनी सरकारान हें संकट सोडोवपा खातीर गरजेचीं पावलां उबारूंक नाशिल्ल्याची टिका केली. ह्या संकटाक लागून देशभरांत भंय निर्माण जाला, आनी एलपीजीचो उणाव समाजांतल्या गरीब आनी मध्यमवर्गीय वर्गांचेर वायट परिणाम करता अशें खरगे हांणी सांगलें.

एलपीजी आयात करपाक आडमेळीं येवंक शकतात हाची सरकाराक पयलींच खबर अशिल्ली जाल्यार आदींच पर्यायी वेवस्था कित्याक जाली ना असो आरोप तांणी केलो

टपाल खातें-

टपाल खातें आज सावन २४ स्पीड पोस्ट सेवा केंद्रां सुरु करतले. या सेवेचे उक्तावण दूरसंचार राज्यमंत्री डॉ. चंद्रशेखर पेम्मासामी हांच्या हस्तुकीं दनपरा १२:३० वारांचेर जातलें. हे सेवे वरवीं, तात्काळ आनी संवेदनशील टपाल वस्तू वेळार, फुडल्या दिसा पावोवपाची हमी दिल्या. सुरवातीच्या टप्प्यांत ही सेवा दिल्ली, मुंबय, चेन्नई, कोलकाता, बेंगळुरू, आनी हैदराबाद हांगा उपलब्ध आसतली.

वेंचणुक

आसाम, केरळ आनी पुडुचेरींत जावपी विधानसभा वेंचणुके खातीर अधिसुचोवणी जारी जाले उपरांत उमेदवारी दाखल करपाची प्रक्रिया सुरू जाल्या. तमिळनाडू आनी अस्तंत बंगाल हांचे वांगडा ह्या राज्यांनी जावपी विधानसभा वेंचणुकेचें वेळापत्रक आयतारा जाहीर जालें. आसाम, केरळ आनी पुडुचेरी 9 एप्रीलाक वेंचणूक लढयतले. चारुय राज्यां खातीर आनी केंद्रशासित प्रदेशाच्या मतांची मेजणी 4 मेक जातली.

बॅडमिंटन-

आज  फ्रांसांत सुरू जावपी ‘ऑर्लियन्स मास्टर्स सुपर 300’ बॅडमिंटन  सर्तींत वरिश्ठ खेळगडो किदम्बी श्रीकांत, तरणाटे खेळगडो  आयुष शेट्टी आनी तन्वी शर्मा खेळतली . भारताचो  वरिश्ठ शटलर एच.एस. प्रणॉय फाटल्या सप्तकांत बासेलांत जाल्ल्या ‘स्विस ओपन’ सर्तींत खांद्याक दुखापत जाल्ल्यान सर्तींतल्यान भायर सरला

वेदर

भारतिय  हवामान खात्यान फाल्यां नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा हांगाच्या काय  सुवातिनी वीज आनी वादळी वारया खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या दोन दिसांनी झारखंड, आंध्र प्रदेश, अरुणाचल  प्रदेश, आसाम, मेघालय, बिहार, छत्तीसगड, हिमाचल  प्रदेश, महाराष्ट्र, ओडिशा, तेलंगणा, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांगाय अशीच हवामानाची परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.